भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जोना आनी व्हडलें नुस्तें



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जायत्या वर्सां आदीं जोना नांवाचो एक मनीस इज्रायल देशांत रावतालो. एक दीस देवान ताका संवसारांतलें सगळ्यांत व्हडलें, सगळ्यांत बळिश्ट शार निनेव्हेक वचपाक सांगलें.



जोनान थंयच्या सगळ्या लोकांक
शिटकावणी दिवपाची आशिल्ली की
ते कितले वायट आसात तें
देवाक खबर आसा.




जोनान देवाचें आदन्या मोडली!
निनेव्हेक वचचे बदला जोना
तारवाचेर बसलो आनी उरफाटे
दिकेन तारशीश नांवाच्या
जाग्यार गेलो.

प्रभु देवान दर्यांत व्हडलें वारें धाडलें. व्हडलें वादळ आयलें!
तार मोडून बुडूंक शकता असो भंय तारवटयांक दिसतालो.



वादळ चडांत चड वायट जायत गेलें. भियेवन तारवटयानी आपल्या देवांक मागणें करून तारव हळुवार करपा खातीर सगळो माल दर्यांत उडयलो. पूण कांयच आदार जालो ना.



जोना हो जहाजाचेर एकलोच मनीस मागणें करीनाशिल्लो. ताचे बदला तो तारवा भितर पडून बरे न्हिदेंत आशिल्लो. तारवाचो कपतान ताका मेळ्ळो. “तुमी न्हिदेंत कितें करतात? उठ! तुमच्या देवा कडेन एक प्रार्थना म्हण! घडये देव आमचो विचार करतलो, जाका लागून आमचो नाश जावचो ना.”



तारवटयानी रोखडेंच थारायलें की तांच्या त्रासाचो जोना कडेन संबंद आसा. ताणें तांकां सांगलें की तो सर्वेस्परा कडल्यान पळून वता. तांणी विचारलें, “आमचे खातीर दर्या शांत जावचो म्हूण आमी तुकां कितें करूं?” “म्हाका उखलून दर्यांत उडय” जोनान जाप दिली.

“कारण म्हजे खातीर हें व्हडलें वादळ तुमचेर आयलां हाची म्हाका खात्री आसा.”



तारवटयांक जोनाक दर्यांत उडोवपाची इत्सा नाशिल्ली. देखून तार जमनीर हाडपाखातीर तांणी कश्ट करून तारवटी केली.



माफी मागल्या उपरांत तारवटयांनी जोनाक उखलून
कुशीक उडयलो.
जोना ल्हारां
सकयल ना
जालो तसो दर्या
शांत जालो आनी वारें उणें
जालें. हवामानांतल्या अचकीत
बदलाक लागून वादळा परस
तारवटयांक चड भंय दिसलो.
फकत देवच तशें करूंक शकता
हें तांकां खबर आसूंक जाय.
भियेवन आनी आश्चर्यान
सर्वेस्पराक ते भजले.



इतलेमजगतीं, आज्ञाभंग करपी दूताक व्हडलें अजाप मेळ्ळें. दर्याच्या खोलायेंत असहाय्यपणान बुडून गेल्ल्या जोनाक कळ्ळें की ताका बुडपा पसून कांयच वाचवंक शकना. तोय बुडून गेल्लो आसतलो — पूण देवा कडेन हेर येवजण्यो आशिल्ल्यो.



जोनाक गिळपाक सर्वेस्परान व्हडलें नुस्तें तयार केल्लें. नुस्तें वेळार बरोबर आशिल्लें! एक घूंट आनी जोना दर्यांतल्यान भायर सरून नुस्त्याच्या पोटांत भितर सरलो.
जोना तीन दीस नुस्त्या भितर रावलो. ताका विचार करपाक आनी मागणें करपाक
खूब वेळ मेळ्ळो.



तीन दिसांनी निमाणे जोनान देवाचें आदन्या पाळपाचें उतर दिलें. रोखडेंच देव त्या नुस्त्याक लागी उलयलो आनी ताणें जोनाक दर्यादिगेर उलटी केलो.



परत एक पावटीं देवान जोनाक निनेव्हेक वचून देवाचें उतर प्रचार करुंक सांगलें. हे खेपे जोना गेलो! जोना शारांत भितर सरलो, “चाळीस दिसांनी निनेव्हे देव उडयतलो.”



निनेव्हेच्या लोकांनी देवाच्या उतराचेर विस्वास दवरलो. ते जेवणा बगर गेले, आनी आपल्या पात्कां खातीर आपूण दुख्खी आसा अशें देवा कडेन दाखोवंक बोटी घातली. राजा लेगीत देवा मुखार नम्र जालो. तो आपल्या सिंहासना वयल्यान देंवलो, बोटी घालून भस्मांत बसलो. ताणें दर एकल्याक आपले वायट मार्ग आनी हिंसाचार सोडून वचूंक आनी सर्वेस्परान तांकां माफ करुंक मागणें करुंक आदन्या केली.




देवान तांकां माफ केलें! देवान माफ केल्या हें लोकांक कळळें
तेन्ना निनेव्हेंत एक अद्भुत खोशेचो दीस आसूंक
जाय. ... पूण एकल्याक खूब
राग आयलो.
जोना!



जोनाक कित्याक राग आयलो?
ताणें देवा कडेन म्हणलें, “तुमी
कृपाळू देव, दयाळ, रागाक मंद
आनी दयाळपणांत व्हड अशें
म्हाका खबर आशिल्लें.”
म्हणल्यार, आपल्या पात्कां
खातीर दुख्खी जावन देवाच्या
उतराक पाळो दिवपी लोकांक
देव सदांच माफ करता हें जोनाक
खबर आशिल्लें. निनेव्हेचो लोक
जोनाक आवडनाशिल्लो अशें
दिसता. तांकां माफ जावचें
अशें ताका दिसनाशिल्लें.

जोनाक देवा कडेन इतलो राग आयलो की ताणें म्हणलें, “म्हजो जीव म्हजे कडल्यान काडून घे; कित्याक जिविता परस मरण म्हजे खातीर बरें.”





जोना शारा भायर बसलो, देव फुडें कितें करतलो तें पळोवपाची वाट पळयत. प्रभु देवान व्हड पानां आशिल्ली एक वनस्पत तयार केली. ती बेगीन वाडली, आनी दीसभर जोनाक उश्ण सुर्या थावन सावळी घाली.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं देवान एक किडो धाडलो, ताणें वनस्पत मारली. मागीर, प्रभून एक गरम, खर वारें तयार केलें आनी जोनाक आपूण मरतलों अशें दिसलें. ह्या सगळयांक लागून जोनाक आनीक राग आयलो.




तेन्ना सर्वेस्परान जोनाक म्हणलें, “तुका राग
येवपाचो कसलो अधिकार आसा? ज्या वेली
खातीर तुवें काम केलें ना आनी तुवें
वाडूंक ना, त्या वेलीचेर
तुका दया आयली.


तें एके राती वयर आयले आनी एका रातींत मेले. हजारांनी लोक आशिल्ल्या त्या व्हडल्या शार निनेव्हेक हांव कित्याक दया करचो ना?”

# जोना आनी व्हडलें नुस्तें

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

जोना

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16